07.01.2026 7.25 am

आकाशवणी पणजी, प्रादेशिक खबरा विभाग – प्रादेशिक खबरो

राज्य सरकारान दर वर्सा १६ जानेवारी हो अस्मिताय दीस म्हूण मनोवपाचो निर्णय घेतला.हे विशीं शाळांनी गोंयची अस्मिताय, दायज आनी संस्कृताय हांचेर भर दिवपी कार्यावळी १६ जानेवारीक आयोजीत करच्यो. हातूंत जनमत चाचणी, राज्याचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायज, इतिहास, परंपरा, लोककला, संगीत, नाच आनी हेर सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडूं येतात. शाळांनी विद्यार्थ्यां खातीर आनी शिक्षकां खातीर जनमत दिसाचें म्हत्व, गोंयची अस्मिताय आदी विशयांचेर निबंद / वक्तृत्व/ पोस्टर देशभक्ती गीतगायन सर्त, पारंपरीक भेस सर्त, प्रस्नमंजुषा,गोंयची अस्मिताय, सांस्कृतीक दायज, गोंयची परंपरा आनी अभिव्यक्ती दाखोवपी उलोवप /जागृताय कार्यावळ,जनमत चाचणेचेर माहितीपटाचें प्रदर्शन अशा कार्यावळीचे आयोजन करचे.ह्यो कार्यावळी कोंकणी/ मराठी/ हिंदी/ इंग्लीश भाशेंत करूं येतात. सहभाग घेतिल्ल्यांचो आंकडो आनी जिओ टॅग केल्ले कार्यावळीच फोटो आनी विडीयो २१/०१/२०२६ दिसा वा ताचे आदीं अपलोड करूंक शकतात असो आदेश शिक्षण खात्यान शाळांच्या वेवस्थापनांक दीला.

पणजेच्या पशुवैजकी म्हाविद्यालयाचे सचीव आनी संबंदीत खात्याच्या मुखेल्या सयत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा काल मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी मंत्रालयात बसका घेतली. म्हाविद्यालय सुरू करपाची जूनांतली मुजत पाळप, कॅम्पस बेगीन पुराय करप, उपकरणांची खरेदी, पशुवैजकी हॉस्पिटल आनी क्लिनीकल संकुल स्थापन करप, शिक्षणीक आनी बिगर शिक्षणीक पदां तयार करप हाचेर चर्चा जाली. तशेंच प्रस्तावीत नुस्तेमारी म्हाविद्यालया खातीर गोंय विद्यापिठा कडेन संलग्नताय, जमनीची उपलब्धताय, येरादारी जोडणी अशा मुखेल प्रस्नांचेरय विचार केलो. बसकेंत नुस्तेमारी क्षेत्रा खातीर प्रगती आनी फुडाराच्या येवजण्यांचो फुडलो नियाळ घेतलो, तातूंत मुळाव्या साधनसुविधांची गरज, नुस्तेमारी मळार पात्र गोंयकारांची उपलब्धताय, नुस्तेमारी म्हाविद्यालय स्थापन करपाचे दिकेन ठोस पावलांचो आस्पाव केला अशी म्हायती ह्या बसके उपरात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

दिल्ली भोंवडे वेळार कैंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांणी राज्यांत ७ हजार कोटींच्या ५ प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. राज्यांत आतां मेरेन ३० हजार कोटींचीं महामार्गाचीं कामां चालीक

लागल्यांत. ते भायर राज्यांतल्या पुलांचें  तशेंच इमारतींचें बेगीनूच ओडीट जातलें, अशी म्हायती भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली.

Byte - Digambar

णवव्या  aqua goa mega fish fetival चे आयोजन 9-11 जानेवारी ह्या काळात पणजे कांपालच्या दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर केला अशी म्हायती नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले जाल्यार हो महोत्सव सकाळी 10 ते राती 10 मेरेन उक्तो आसतलो अशी म्हायती मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.

Byte Nilkanth

ठाणे जनता सहकारी म्हळ्यार Tjsb बँकेच्या काणकोण शाखेन 2026 वर्साच्या कॅलेंडराचें अनावरण काणकोणा श्री. मल्लिकार्जुन देवस्थान हांगा केले. युनेस्को संवसारीक दायज स्थळ म्हूण जाहीर केल्ल्या छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या 12 किल्ल्यांची म्हायती ह्या कॅलेंडरात दिल्या. ही म्हायती क्यूआर कोडांतल्यान ऑडिओ वरवींय आयकूंक मेळटा.

मुख्यमंत्री देव दर्शन यात्रेवरवी 9 जानेवारीक इत्सुक भाविकांक वालांकणी दर्शनाक  वरपाची सोय केला.  हे खातीर  www.yatra connect.in ह्य  संकेतस्थळांचेर ७-८ जानेराच्या काळांतइत्सुक नागरीकांनी नोंदणी करची अशे आवाहन  समाज कल्याण खात्याचे  मंत्री सुभाश पळदेसाय हांणी केला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  ३२.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १८.6  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.